गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

सरकारी पत्रक

**काणकोणा स्वातंत्रताय दीस मनयलो**

ता. 16 ऑगस्ट 2019

देशातल्या अनेक क्रांतीकारी, सत्याग्रहीं आनी पराक्रमी दादल्या-बायलांनी स्वातंत्र्य चळवळीत उडी घेवन आपल्या जीणेचो त्याग केलो आनी तांच्या त्यागाक लागून आमचो देश स्वतंत्र जावपाक पावलो. तांच्या खर प्रयत्नांनी मेळयिल्ले हे स्वातंत्र्य आमी राखून दवरपाक जाय तशेंच आमी आमच्या तिरंग्याची प्रतिशठा आनी सन्मान राखपाक जाय, अशें उपसभापती श्री. ईजीदोर फर्नांडिस हांणी काणकोणच्या गायतोंडे मैदानाचेर आयोजीत 73 व्या स्वातंत्रताय दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयले उपरांत उलयतना सागलें.

आयज आमचो देश प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या सक्षम नेतृत्वाखाला उदरगतीच्या मळार नेटान पावलां मारीत आसा. केंद्र सरकारान जम्मू-काश्मीराक लागू आशिल्ले कलम 370 रद्द करून जम्मू-काश्मीराक देशाच्या मुख्य प्रवाहात हाडला आनी आता जम्मू-काश्मीरातल्या लोकांक घटनेतले सगळे अधिकार आनी कायदे लागू जातले. देशात एक घटना, एक ध्वज हो सिद्धांत प्रत्यक्षात येतलो.तशेंच आमच्या देशान चंद्रयान-2 चें प्रक्षेपण करून जगात इतिहास रचला. चंद्रयान-2 ऑगस्टाच्या 20 तारखेक चंद्राच्या कक्षेत प्रवेश करतले आनी 7 सप्टेंबराक ते चंद्राचेर देवतले, अशें सांगून श्री. फर्नांडिस हांणी व्हीजनरी प्रधानमंत्र्यांचे अभिनंदन केलें.

श्री. फर्नांडिस हांणी काणकोण तालुक्यात चार रस्तो ते माशे मेरेनच्या रस्त्याच्या चालू आशिल्ल्या कामाचो तशेंच तळपण,गालजीबाग आनी माशें पुलाच्या बांदकामाचो उल्लेख करून समाजातल्या सगल्या घटकांक विकासाच्यो समान संदी उपलब्ध जातल्यो अशें सांगलें.

सुवाळ्याक उपजिल्होधिकारी श्री.कांबळे, स्वातंत्र्य सैनिक, मामलेदार श्री. रघुराज फळदेसाय, जोड मामलेदार श्री. शाणू वेळीप,जिल्हो पंचायत वांगडी डॉ. पुष्पा अय्या, उपनगराध्यक्ष श्री. किशोर शेट, हेर नगरसेवक, सरपंच, पंच, नागरीक आनी विद्यार्थी हजर आशिल्ले.

श्री. शिरीष पै हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/500

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA